## राज्यपालाकडल्यान गुरू नानक जयंतीनिमतान परबीं

ता. 14 नोव्हेंबर 2024

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी  गुरू नानक देवजींच्या जयंतीनिमतान गोंयच्या लोकांक आनी खास करून  शीख बांधवांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गुरू नानक जयंतीच्या शुभ प्रसंगार आमी तांच्या जीणेचो आनी शिकवणीचो उगडास करतात, जे शीख समाजाचे संस्थापक आनी आध्यात्मिक जगाचे मार्गदर्शक आसात. गुरु नानक देवजींचो संदेश धर्म, जात-पातीच्यो सगल्यो शिमो पयस करता आनी संवसाराक समानताय आनी दयेची शिकवण दिता. तांच्या शिकवणीत जीणेच्या सगल्या बाबतीत ईश्वराप्रती एक्यभाव, निसुवार्थ सेवेचे म्हत्व आनी सत्याच्या मुल्यांचेर भर आसा.

गुरू नानक देवजीन आपल्या अनुयायांक मानवता, ध्यान आनी सतत ईश्वर नामस्मरण करपाक प्रेरीत केल्ल्यान तांची जीण दयेची कसोटी जावन आसा. शुध्द भक्ती, प्रामाणिक जीण आनी दुसऱ्यांक मदत करून आध्यात्मिक गिन्यान वाडोवप शक्या आसा, अशें ते मानताले.

हो पवित्र दिस मनयतना आमी  गुरू नानकजींच्या भावपण आनी मानव सेवा संदेशाप्रती पात्र थारूया, जाका ईश्वरी म्हत्व आसा. आमी आमच्या दिसपट्टे जीणेत तांच्या शिकवणीचे आचरण करून हो संवसार सगल्यांखातीर योग्य सुवात करपाचो यत्न करूया. गुरू नानक जयंतीच्या ह्या प्रसंगार आमकां मानवता, करूणा आनी सत्याच्या मार्गान जगपाची प्रेरणा मेळू, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/    / विगां/ 2024/640

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.